# राजभवनार संविधान दीस मनयलो

ता. 26 नोव्हेंबर 2021

राजभवनार आयज संविधान दीस मनयलो. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांच्या उपस्थितीत कार्यक्रम जालो. ह्या वेळार भारताच्या राष्ट्रपती बरोबर राजभवन कार्यालयांतले अधिकारी आनी खास निमंत्रीतांनी ऑनलायन भारतीय संविधान उद्देशिकेचे वाचन केले. संविधान तंज्ञ एड. अरूण कृष्णा आनी गोंय विद्यापीठाच्या राजकीयशास्त्र विभागाचे मुखेली डॉ. राहुल त्रिपाठी कार्यक्रमाक खास निमंत्रीत म्हूण उपस्थित आशिल्ले.

राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना राज्यपालान मानादीक प्रधानमंत्र्यानी गवर्नन्साखातीर संविधानाक "पवित्र ग्रंथ" म्हणील्ल्या उतरांचो उगडास करून संविधानाच्या उद्देशिकेत सामान्य मनशाच्या गरजांचे म्हत्व सुंदर तरेन सांगला, अशें राज्यपालान म्हणलें. लोकांनी संविधानावयलो आपलो विस्वास आनीक मजबूत करपाचोय उलो राज्यपालान ह्या वेळार मारलो.

एड. अरूण कृष्णा हांणी आपल्या उलोवपात आमचे संविधान एक जीवंत आनी प्रभावी दाखलो आसून ते विविधतायेमदी देशाच्या लोकांक एकसंघ दवरता, अशें सांगलें.

डॉ. राहुल त्रिपाठी हांणी लोकांमदी भारतीय संविधानाविशीं जागृताय करपा खातीर दोन वर्साफाटी तयार केल्लो "व्ही द पिपल" (we the people) अहवाल सादर केलो.

राज्यपालांच्या सचिवान मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/993

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji